**<u>पत्रादेवीच्या स्वातंत्र्य दीस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर कदंब बसीची वेवस्था</u>**

ता. 14 ऑगस्ट 2023

स्वातंत्र्य सैनिकांक फाल्या पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडेन आयोजीत स्वातंत्र्य दीस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक मेळचे म्हूण गृह खात्यान स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर आझाद भवन, पर्वरी ते पत्रादेवी आनी परत अशी एका सेमी लक्झरी कदंब बसीची वेवस्था केल्या.

जीए-03- एक्स-0475 ह्या नंबराची कदंब बस सकाळी 9.00 वरां पयली पर्वरी हांगा आझाद भवनाकडेन पार्क केल्ली आसतली. श्री. सश्चित परब ( मो. नं. 8412877508) हे बसीचे ड्रायव्हर आसात. पत्रादेवीचो कार्यक्रम सकाळी 11.30 वरांचेर जातलो. कार्यक्रम सोपले उपरांत स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन बस परत पर्वरी आझाद भवनाकडेन येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/637

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.